**24 ऑक्टोबराक संयुक्त राष्ट्र दीस**

ता. 23 ऑक्टोबर 2025

राज्यांत 24 ऑक्टोबर 2025 दिसा संयुक्त राष्ट्र दीस मनोवपात येतलो. ह्या दिसा राज्याची राजधानी आनी जिल्हा मुख्यालयातल्या ज्या इमारतींचेर नेमान राष्ट्रीय बावटो हुबयतात त्या सगळ्यां इमारतींचेर राष्ट्रीय बावट्या वांगडा संयुक्त राष्ट्राचोय बावटो हुबोवपात येतलो.

पणजी आनी जिल्हा मुख्यालयातली जी सरकारी खातीं, कार्यालयां, भौशीक क्षेत्रातली आस्थापनां नियमीतपणान राष्ट्रीय बावटो हुबयतात तांणी ता. 24 ऑक्टोबर 2025 दिसा राष्ट्रीय बावट्या वांगडा संयुक्त राष्ट्राचोय बावटो हुबोवचो असो आदेश सर्वसामान्य प्रशासन खात्यान दिला.

पुण संयुक्त राष्ट्राचो बावटो राजभवन इमारत, विधानसभा इमारत आनी उच्च न्यायालय इमारतीचेर हुबोवपात येवचो ना.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/828

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.